# <u>उपमुख्यमंत्री श्री.  आजगांवकर हांचे हस्तुकीं विविध विकास कामांची पायाभरणी</u>

ता. 11 फेब्रुवारी 2020

उपमुख्यमंत्री श्री.  मनोहर आजगांवकर हांणी पेडणे मतदारसंघातल्या भाईडवाडो कोरगांव, वारखंड, हणखणे, हंसापूर, शेमेचे आडवण आनी कासरवर्णे वाठारांत विविध विकास कामांची पायाभरणी केली.

ह्या वेळार उलयतना श्री.  आजगांवकर हांणी राज्यातली बेरोजगारीची समस्या सोडोवपा खातीर नवीन रोजगाराच्यो संधी निर्माण करपा खातीर सरकाराचे सतत प्रयत्न चालू आसात म्हणपाचे सांगून मोपा विमानतळ, रविंद्र भवन, आयुष हॉस्पिटल, क्रिकेट स्टेडिएम आनी हेर नियोजीत प्रकल्पाक लागून फुडारांत पेडणे तालुक्यात मोठ्या प्रमाणात रोजगाराच्यो संधी उपलब्ध जातल्यो, अशें सांगले.  सरकारान गांवच्या लोकांच्या सोयिखातीर रस्ते, फुटपाथ, राखणे वणत अशां अनेक विकास प्रकल्पांची कामां सुरू केल्ली आसून ही विकास कामां पुर्ण करपा खातीर लोकांनी सहकार्य करपाची मागणी तांणी केली.

सरपंच श्रीमती स्वाती पार्लोस्कर, श्री.  प्रदीप पार्लोस्कर, श्री.  पांडुरंग पार्सेकर, श्री.  संतोष मळीक, श्रीमती सोनाली इब्राम्हपूरकर, उपसरपंच श्री.  कुस्तान कुयेल्हो, श्रीमती स्मिता बांदेकर, श्री.  श्याम नाईक, लक्ष्मी नाईक आनी हेर पंच वांगडी हे वेळार हजर आशिल्ले.

म्हा /सप/ जॉआ/ विगां/ 2020/127

--

DIRECTORATE OF INFORMATION AND PUBLICITY.
THIRD FLOOR,UDYOG BHAVAN,
NEAR AZAD MAIDAN, PANAJI GOA